**<u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं “उदकाचो सांबाळ” विशयावयल्या कार्यशाळेचे उक्तावण</u>**

ता. 19 जानेवारी 2021

राज्यांतल्या वेगळ्या वेगळ्या धरणांतलो गाळ उपसुपाची गरज आसून त्या खातीर उदकास्त्रोत खात्यान येवजण तयार करची अशें सांगून मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उदकाचो प्रत्येक थेंबो आमच्या खातीर “अमृत” आशिल्ल्याचे तांणी म्हणले.

मुख्यमंत्री साखळें रविंद्र भवनात उदकास्त्रोत खात्यान “उदकाचो सांबाळ” ह्या विशयाचेर आयोजीत कार्यशाळेचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले. सुमार 400 शेतकारांनी ह्या दीसभराच्या कार्यशाळेत वाटो घेतिल्लो.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान शेतकारांनी आपल्या तयार शेती म्हालाचो योग्य तरेन विक्री वेव्हार करपाक सांगून संवसारांत शेती वेवसाय करून नावलौकीक मेळयिल्ल्या शेतकारांची अनेक उदाहरणां दिली.

मुख्यमंत्र्यान उदकाचे वेवस्थापन आनी उदकाचो सांबाळ करपा खातीर उदकास्त्रोत खात्यावतीन करपात येवपी कामाची तुस्त केली.

राज्यांत 6 धरणां आनी 300 बंधारे आसात जे आमची उदकाची गरज भागयतात. स्वयंपुर्ण गोंय येवजणेखाला राज्यांतल्या गरजू शेतकारांक मदत करपाक सरकार तयार आसा. शेतकारांक शेती वेवसायाखातीर प्रोत्साहन दिवपा खातीर सरकार कोटीनी रुपया खर्च करून ल्हानव्हड बंधाऱ्यांचे बांदकाम करता. अशां बंधाऱ्यांची बारीक सारीक दुरूस्ती कामां शेतकारांनी फुडें सरून करपाक जाय, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

राज्यांत सध्या भरपूर प्रमाणात उदकाचो साठो आसा, पुण उदकाची जावपी गळटी थांबोवपा खातीर योग्य वेवस्थापनाची गरज आशिल्ल्याचेय मुख्यमंत्र्यानी सांगले.

उदकास्त्रोतमंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स हांणी उदकाचो सांबाळ करपा खातीर आधुनिक तंत्रज्ञान, वेवस्थापन आनी जलशास्त्र प्रकल्प म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून सरकार राज्यांतल्या उदकास्त्रोतांचो सांबाळ करपाक प्रयत्नशील आशिल्ल्याचे म्हणले.

ह्या वेळार नवी दिल्लीच्या दीनदयाळ रिसर्च संस्थेचे श्री. अतुल जैन, पुणेच्या यशदा संस्थेचे श्री. प्रदीप गारूले, सिंधुदुर्गचे श्री. हेमंत वासेकर, जिल्हा पंचायत वांगडी

गोपाळ सुर्लकार, महेश सावंत, सगुण वाडकार, शंकर चोडणकार आनी  उदकास्त्रोत खात्याचे मुखेल अभियंते श्री. श्रीकांत पाटील हाजिर आशिल्ले.

सुरवातीक श्री. श्रीकांत पाटील हांणी येवकाराचे उलवप केले. श्री. भावे हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री. शैलेश नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/83

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji